आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागा

Panaji regional 5 June 2025 at 7.20 pm

मुखेल खबरो

- गोयाची सासशट टक्के green coverage सांबांळुन शाश्वत उदरगत करपाक सरकार महत्व दीता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज जागतिक पर्यावरण दिसानिमित्त नवी दिल्लीत भगवान महावीर वनस्थळी पार्कात एका खाशेल्या वृक्षारोपण मोहिमेचे फुडारपण केले
- राज्यांत फुडल्या तीन महयन्यांच्या काळांत वेगवेगळ्या सुवातीचेर सुमार पांच लाख झाडांची लागवड करतले. तशेंच पालिका वाठारांत सुवात उपलब्ध आसल्यार झाडां रोयतले आनी तांची जतना जीसुडा घेतली अशी म्हायती रानां मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली.

रश्मि /सुभाष 230

गोयाची सासशट टक्के green coverage सांबांळुन शाश्वत उदरगत करपाक सरकार महत्व दीता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते गोय जैवविविधताय मंळान आयोजीत केल्ल्या पर्यावरण दीसाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. एकल वापर प्लॅस्टिकाचेर ह्याफुडे गोयांत कडक/साणीन बंदी घालतले अशे मुखेलमंत्र्यानी ह्या वेळार म्हणला. ह्या कार्यावळी वेळार गोंय जैवविविधताय म्हामंडळान तयार केल्लो खाजन जमनीच्या पुर्न जीवना खातीरचो वेवस्थापन आराखडो तशेंच जैवविविधताय म्हामंडळाचो वर्सुकी पर्यावरण अहवाल मुखेलमंत्र्यानी प्रकाशीत केलो. उद्देजकांनी कोयर वेवस्थापन आनी उदकाचेर प्रक्रीया करून ताचो पुर्नवापर करचे अशेय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान

केला.जाल्यार गोयच्या दर्यादेगाची झिज जांवन जमीन आणि मातयेची धूप, जियेपाचो प्रस्न आनी खारफुटीची सांभाळ करपाच्या नदरेतल्यान सरकार खासा आराखडो तयार करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या. गोंय पाचवेचार आनी नितळ दवरप ही फकत सरकाराची न्ही जाल्यार जण एका गोंयकाराची जवाबदारी,घर नितळ दवरून घरातलो कोयर रस्त्यार उडोवप समा न्ही,तशेंत पर्यावरण दीसाच झाडा रोवप ही मानसिकता लेगीत चुकीची.पर्यावरण पाचवेचार दवरपाक मनशान कायम वावुरपाक जाय अशे ह्यावेळार राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी म्हणला. कार्यावळीचे मानाचे सोयरे पर्यावरण मोगी प्रकाश आमटे हांणी ह्यावेळार

पर्यावरण सामाळपाक वावुरपी बिगर सरकारी संघटनांनी पर्यावरणाच्या नावान दुसऱ्या खंयच्या हेर हेतान काम करप चुकीचे अशे म्हणला. संसारीक पांवड्याचेर प्लॅस्टिक प्रदूशणाचो प्रस्न सुटावो करप ह्या संकल्पनेचेर अंदुचो सांसारिक पर्यावरण दीस मनयता. हेच फांटभुयर आयोजीत केल्ली पर्यावरण दीसाची कार्यावळ पणजे दोनापिवला राज भवनाच्या दरबार सभाघरात आयज जाली.ह्या कार्यावळीक मंदाकीनी आमटे,गोय राज्याचे मुखेल सचीव वी.कानदीवेलु, पर्यावरण खात्याचे सचीव अरूण कुमार,गोंय जैवविविधताय म्हामंडळाचे संचालक सचीन देसाय तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

Byte

पीएम envt 40

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज जागतिक पर्यावरण दिसानिमित्त नवी दिल्लीत भगवान महावीर वनस्थळी पार्कात एका खाशेल्या वृक्षारोपण मोहिमेचे फुडारपण केले. एक पेड माँ के नाम उपक्रमांतर्गत मोदीं हांनी  अरवली ग्रीन वॉल प्रकल्पाचो एक भाग म्हणून हे रोप लायले. .हे कार्यावलीत उलयताना प्राध्यानमंत्रयानी म्हणले की BYTE

राजेश 40

दिवचलच्या श्री शशिकांत जयवंतराव सरदेसाई कृतघ्नता निधी फाउंडेशन हांच्या वतीन गरजू विद्यार्थ्यांतीर शिक्षणीक साहित्य भेटोवपाचो सुवाळो हालींच जालो.या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हुणून समाजीक वावुरपी दीनानाथ तारी, फाउंडेशनची संचालक तारा सरदेसाई, रामा कृपाल नाईक हजर आशिल्ले. हे वेळार विद्यार्थ्यांक शैक्षणिक साहित्याचे वितरण केलें.

सुशांत 220

राज्यांत फुडल्या तीन महयन्यांच्या काळांत वेगवेगळ्या सुवातीचेर सुमार पांच लाख झाडांची लागवड करतले. तशेंच पालिका वाठारांत सुवात उपलब्ध आसल्यार झाडां रोयतले आनी तांची जतना जीसुडा घेतली. तशेंच २५० एफ एस आय परस चड उंच इमारतींक व्हर्टिकल फॉरेस्ट केले बगर कसलेच तरेची मंजुरी मेळची ना, अशी म्हायती रानां मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. मडगांवच्या सोनसडो कोयराच्या यार्डाचे सुवातेर उण्या वाठारांत दाट रान उबारपाचो उपक्रम सुरु केला. हाची सुरवात नगरनियोजन मंत्री विश्वजीत राणे हांचे सयत आमदार दिगंबर कामत, नगराध्यक्ष दामू शिरोडकार आनी नगरसेवकांचे हाजेरींत जाली. गोंय हें ल्हान राज्य जरी आसलें तरी फुडल्या तीन म्हयन्यांच्या काळांत राज्यभर सुमार पांच लाख झाडांची लागवड करतले. हीं झाडां खंय लायलीं हाची म्हायती मेळटली. तशेंच पालिका वाठारांत जंय सुवात आसा, थंय पालिका मंडळाक वांगडा घेवन झाडां रोयतले. जीसुडा वरवीं तांचो सांबाळ करतले. पालिकांचेर कसलेच तरेचें वजें पडचें ना, अशेंय सांगलें. हाची अधिसुचवणी फुडल्या बिरेस्तार मेरेन येतली. तशेंच ह्यां उंच इमारतींचो रंग हो धवो आसपाची गरज आसा. तशेंच इमारतींची उंचाय, पार्किंगची वेवस्था आनी हेर सुविधा हे खातीर आनीक कांय निर्णय घेतले. सात ते आठ माळयेच्या इमारतींक हाचो फायदो जातलो, अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें.

दाट रानाच्या पयल्या प्रकल्पा खातीर नगरनियोजन आनी रान खात्यान सोनसडो यार्डाची निवड केल्या. हें पुराय जाले उपरांत हाचे फाटल्यान आशिल्लो कोयरूय दिसचो ना. मडगाव सावन ह्या प्रकल्पाची सुरुवात जाल्ल्यान शारी वाठारांत अशे तरेचीं दाट रानां उबारपाची संकल्पना अस्तित्वांत येतली. हाका सगल्यांनी सहकार्य करपाची गरज आमदार दिगंबर कामत हांणी उक्तायली.

सुशांत 90

मडगांवच्या गोमंत विद्या निकेतन संस्थेन तीन दिसांचो पंचमवेद नाट्य महोत्सव ६ जूनासावन आयोजित केला. ८ जून मेरेन जावपी ह्या महोत्सवात तीन मराठी नाटकां सादर करतले अशी म्हायती विद्या निकेतनचे अध्यक्ष सलील कारे हांणी दिली. ह्या महोत्सवात ६ जुनाक रुद्रेश्वर पणजी संस्थेचे 'पालशेत/ची विहीर' हे नाटक सादर आसतले. ७ जुनाक राखाडी स्टुडिओ पुणे आणि कला/साद पुणे हांचे 'उच्छाद'हे नाटक जाल्यार ८ जुनाक राखाडी स्टुडिओ पुणे हांचे 'लव इज हार्मफुल' हे नाटक सादर जातले. हीं सगळीं नाटकां सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली आनी प्रवेश फुकट आसतलो अशी म्हायती पत्रकार परिशदेंत कारे हानी  दिली.

राजेश 75

दशाअवतारीत नाट्य महोत्सव आयोजन समिती केरी सत्तरी हाणीं केरी ग्रामपंचायतीचे आदले सरपंच सर्गेस्त गणू नारायण गावस यादस्तिक चार दिसांचो दशावतारी नाट्यमहोत्सव आयोजीत केला. पाच जून 2025 ते 8 जून 2025 या चार दिसात केरीच्या श्री बेळे/वंश कुळ/कार देवस्थानच्या सभागृहात सांजवेळा सात वरांचेर दशावतारी नाटकां सादर जातलीं. आज पाच तारखेक घटत्कोच संग्राम, फाल्यां मलकासुर वध,शेनवारा शिवभक्त शबर ,जाल्यार आयतारा सत्व/परीक्षा ही दशावतारी नाटकां जातलीं. चार दिस चलपी या दशावतारी नाट्यमहोत्सवाचे उग्तावण मानेस्तांचे हस्तुकीं आयज रातीं जातले.

प्रसाद 170

फोंडा नगरपालिकेत आज संवसारीक पर्यावरण दीस व्हड उमेदीन मनयलो. ह्या वेळार जाल्ल्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हून नगर नियोजन मंत्री विश्वजीत राणे, फोडेचे आमदार आनी शेती मंत्री रवी नायक, फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष आनंद नायक, उप/नग/राध्यक्ष दीप कोलवेकार, नगरपालिका संचालक ब्रीजेश मनेरीकार, फोंडा नगरपालिकेचे मुखेल अधिकारी खंडेपारकर, फोंडाचे उपजिल्होधिकारी शुभम नायक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. उपस्थित मानेस्त आनी मंत्र्यांच्या हातांतल्यान रोप रोवून संवसारीक पर्यावरण दीस मनयलो.

हवामान 85

पणजी वेधशाळेन नोंद केले प्रमाण वेगवेगळ्या सुवातिनी पावस पडपाची नोंद जाल्या. वेधशाळे प्रमाण वारे वराक पंचे चाळीस ते पंचावन वेगान व्हावतले ताचो वेग वाडून पासष्ट किलोमीटर जाव येता. ह्या वादळी हवामानाच्या फाटभूयेर हवामन खात्यान काय मार्गदर्शक सुचोवनयो दिल्यात.लोकानी शक्य आसलयार प्रवास करप आणि उदक भरता त्या सुवातिनि वचप टाळचे. ह्या वेळार झाडा वा लायटीचे खांबे हूमटुन पडपकहयो घडणूको जाव येता. ह्या दिसांनी पोरणी इमारत वा व्हड झाडापोंदा आलाशिरो घेवप टाळचे. उकत्या सुवातिनि वचप वा जनावरांक चरोवपाक घेऊन वचप टाळात. वेळोवेळ हवामान खात्यान दिल्या सुचोवनयो तपासात. जतनाय घेयात सुरक्षित रावात

स्पोर्ट्स 50

हॉकींत बायलांच्या आशिया कप 2025 चें वेळापत्रक जाहीर जालां. ही सर्त अंदूं 5 ते 14 सप्टेंबर मेरेन चीनांतल्या हांग्झू शारांत जातली. भारतीय बायलांचो हॉकी पंगड 5 सप्टेंबराक थायलंड आड आपली मोहीम सुरू करतलो

आणि आता खबरो सोपोवचे पीलि कय मुखेळ खबरो

- गोयाची सासशट टक्के green coverage सांबांळुन शाश्वत उदरगत करपाक सरकार महत्व दीता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज जागतिक पर्यावरण दिसानिमित्त नवी दिल्लीत भगवान महावीर वनस्थळी पार्कात एका खाशेल्या वृक्षारोपण मोहिमेचे फुडारपण केले
- राज्यांत फुडल्या तीन महयन्यांच्या काळांत वेगवेगळ्या सुवातीचेर सुमार पांच लाख झाडांची लागवड करतले. तशेंच पालिका वाठारांत सुवात उपलब्ध आसल्यार झाडां रोयतले आनी तांची जतना जीसुडा घेतली अशी म्हायती रानां मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली.